Panaji Regional 20th April 2025 7.25am

रश्मि 80

गोंयच्या दर्यादेगेचेर दलालपणा करपी एक हजार जाणाचेर  वर्सभरात कारवाय केल्या अशी म्हायती उत्तर गोंय पुलिस अधिक्षक अक्षत कौशल हांणी दिल्या. जाल्यार 193 जाणाचेंर दार्यादेगेर सोरो पिवन धुमशेणा घालपाखातीर, 545 जाणाचेंर दर्यादेग वाठारात कोयर उडोवपाखातीर, 265 जाणाचेंर कोट्पा कायद्यावरवी तशेंच 14 जाणांचेर दर्यादेगेर गाडी चलोवपाखातीर पुलिशेन कारवाय केल्या अशी म्हायती दिल्या. दर्यादेग वाठारात दलालांचेर कारवाय करपाखातीर पुलिशेकडे संपर्क करपाक फोन नंबराचे तक्ते लायल्यात.तशेंच दर 15 दिसांनी थळाव्या शॅक वेवसायिकाकडे गोंय पुलिस बसका घेवन हे विंशी नियाळ घेता अशी म्हायती अक्षत कैाशल हांणी दिल्या.

-------------------------------------------

रश्मि /गणेश 120

मनशाची भलायकी हीच ताची खरी संपत्ती अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणला. व्यायाम, योग, तशेचं पौष्टिक आहार आनी समतोल दिनचर्या हाका महत्व दिवन प्रत्येकान आपली भलायकी सामाळपाक जाय अशे मुखेलमंत्र्यान म्हला. बायलांक सर्व्हायकल कॅन्सर जावपाची चड शक्यताय आसता. सद्या एचपीव्हीची प्रतिबंधात्मक लस उपलब्ध आसा आनी ताची येसस्वी चांचणी जाल्या. ते खातीर हे लसीं विशीं कसलोच गैरसमज करचो न्हय अशें मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी सांगलें. ते रोटरी क्लब ओफ पणजी आनी वन वल्ड गोवा हांच्या जोडपालवान सर्वाकल केन्सरा आड HPV वाशिन दिवपाची कार्यावळीत मुखेल सोयरे म्हण उलयताले.

-------------------------------------------

सुशांत 115

नवी दिल्लींतल्या नामनेच्या ग्लोबल ह्यूमन रिसोर्स डेव्हलपमेंट सेंटर हे संस्थेन देशांतल्या कायदो म्हाविद्यालयांच्या केल्ल्या सर्वेक्षणांत मडगावच्या गोविंद रामनाथ कारे कायदा म्हाविद्यालयाक राज्यांतलें सगळ्यांत बरें कायदो म्हाविद्यालय म्हणून वेंचून काडलां. हाचे भायर अस्तंत भारताच्या वाठारांत ह्या म्हाविद्यालयान सातवें स्थान मेळ्ळां अशी माहिती विद्या विकास मंडळ ह्या शिक्षण संस्थेचे अध्यक्ष नितीन कुंकळयेकार हांणी दिली. ह्या सर्वेक्षणांत देशभरांतल्या कायदो शाळांचें मुळावी सादन सुविधा, शिक्षणीक उदरगत, संशोधन आनी प्रशिक्षण कार्यावळी, समाजीक क्षेत्रांत केल्लें काम, मेळिल्ले पुरस्कार, हेर वेगवेगळ्या संघटनां कडेन केल्ल्यो कबलाती आनी आदल्या विद्यार्थ्यां वरवीं केल्ल्या प्रभावी कामाच्या निकशांचेर मूल्यमापन केल्लें.

------------------------------------------

Easter -

आयज संवसारभर पासकांची परब मनयतात.

DIP 50

राज्यपाल पी एस श्रीधरन पिलय हाणी समेसताक इस्टरांची परबी दिल्या. आपल्या संदेशांत ताणी म्हणला की "इस्टर जेजू क्रिस्ताच्या गौरवशाली पुनर्जल्माचो उगडास करता. "जेजू क्रिस्तान आमकां देवाचो मोग करुंक आनी आमच्या सांगाती मनशांचो मोग करुंक शिकयलें. हो उत्सव आमकां भावपण, मोग, करुणा आनी भोगसणें हांचो मोलादीक संदेश दिता.

------------------------------------------

DIP 50

मुख्यमंत्री प्रमोद सावंत हांणी गोंयच्या लोकांक, खास करून क्रिस्तांव भाव-भयणींक इस्टराचयो उरबे भरीत परबीं दिल्या.

ह्या दिसा आमी दुसऱ्यांच्या कल्याणा खातीर यत्न करपाचें उतर दिवया आनी लोकांक सशक्त करपाची प्रेरणा दिवया. ह्या सोबीत गोंयांत रावपी आमी सगळ्यांनी

**एकठांय येवन लोकांचें हित सगळ्यांत म्हत्वाचें असो समाज तयार करूंया अशें मुख्यमंत्र्यान आपल्या संदेशात म्हळा.**

**-------------------------------------------**

**रश्मि 20**

**आर्चबीशप फीलीप नेरी फेर्राव हांणी समेस्त गोयकारांक पास्काच्या परबेच्या फांटभुंयेर परबी दील्या. जेजुचो पुर्नजल्म म्हणल्यार मरणाचेर जैत जांवन आसा अशे तांणी म्हणला.**

**-------------------------------------------**

**Weather – 35**

**गोय वेधशाळेनं उक्तायल्ल्या अदमासा प्रमाण आज राज्यांत चडांत चड तापमाना ३५° सेल्सिअस जाल्यार उण्यांत उणे तापमान २७° सेल्सिअस इतले आसतले. फुडल्या ४-५ दिसांत चडांत चड तापमानांत हळूहळू १-२° सेल्सिअसान वाड जातली अशे खात्यानं म्हळां.**

**-------------------------------------------**

**IPL – 60**

**आयपीएल टी-20 क्रिकेटांत काल रातीं जयपूरात सवाई मानसिंह स्टेडियमांत जाल्ल्या मॅचींत लखनौ सुपर जायंटांनी राजस्थान रॉयल्साक फक्त 2 धांवड्यांनी हारयलो. दुसरे खेळांत गुजरात टायटन्सान अहमदाबादांत दिल्ली कॅपिटल्साक 7 विकेटींनी हारयलो.**

**-------------------------------------------**